24.03.2026 8.40 am

खबरो

- पश्चिम आशियातल्या संघर्षाच्या फांटभुंयेर भारतान संबंध निर्माण करपाची, निर्णय घेवपाची आणि संकट व्यवस्थापनाची आपली क्षमता सिद्ध केल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला
- परराष्ट्र मंत्री, डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल अमेरिकेचे परराष्ट्र सचिव, मार्को रुबियो कडे दूरध्वनी वेल्यान संवाद साधलो.
- आसाम, केरळम आनी पुडुचेरी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया सोंपल्या. आयज उमेदवारी अर्जाची छाननी सुरू जातली.
- देशातल्या ट्रॅक अँड फील्ड खेळां खातीर एका नव्या पर्वाची सुरुवात करत, राष्ट्रीय इनडोअर ॲथलेटिक्स चॅम्पियनशिप आज भुवनेश्वरातल्या कलिंगा स्टेडियमात सुरू जाता

Pm west asia 150

पश्चिम आशियातल्या संघर्षाच्या फांटभुंयेर भारतान संबंध निर्माण करपाची, निर्णय घेवपाची आणि संकट व्यवस्थापनाची आपली क्षमता सिद्ध केल्या अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनीं म्हणला.नवी दिल्लीत एका खासगी माध्यम संस्थेन आयोजित केल्या शिखर परिषदेत उलथताना मोदीनी म्हणले की, २८ फेब्रुवारीपासून जागतिक स्तरार अशांतता आसा. तरीय अशा कठीण आणि प्रतिकूल परिस्थितीतय भारत आपल्या प्रगतीचेर आणि विकासाप्रती आशिल्या वचनबद्धतेर विश्वास दवरुन आत्मविश्वासान मुखार वाटचाल करता. मोदींनी ठामपणान सांगले की, भारत आता आव्हानां टाळना तर उरफाटे तो तांचो फुड़ो करता. तांणी अधोरेखित केले की, झुजा सारकी परिस्थितीतय भारताचे धोरण, रणनीती आणि क्षमता पळोवन जग अजापीत आसा. आखाती देशांपासून ते जागतिक पश्चिमेमेरेन आणि जागतिक दक्षिणेकडच्या देशांपासून ते शेजारी देशां मेरेन, भारत सगळ्यां खातीर एक विश्वासू भागीदार आ सा. १.४ अब्ज नागरिकांच्या सामूहिक प्रयत्नान भारत प्रत्येक संकटाचो फुड़ो करत मुखार वाटचाल करता आणि देशाची अर्थव्यवस्था नेटान प्रगती करता . तांणी अशेय नमूद

केले की, ऊर्जा, सारें वा जीवनावश्यक वस्तू आसु, आमच्या नागरिकांक कसल्याच प्रकारची अडचण येवची न्हय हेखातीर देश आपले प्रयत्न सातत्यान सुरू दवरता

Pm 100

पश्चिम आशियातलो संघर्ष सुरू असूनही भारतात ऊर्जा सुरक्षेचे कसलेच संकट ना अशे लोकसभेत पश्चिम आशियातल्या संघर्षाचेर निवेदन दितना आणि या विषयार भारताची भूमिका स्पष्ट करताना प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी सांगले.देशभरात पेट्रोल आणि डिझेलची पुरवण सुरळीत सुरू आसा. भारताकडे ५३ लाख मेट्रिक टनांपरस चड सामरिक पेट्रोलियम साठा आसा असो दावो तांणी केलो

तांणी म्हणले की, या गंभीर परिस्थितीत देशातल्या आणि परदेशातल्या भारतीयांची सुरक्षा हे सरकारचे सर्वोच्च प्राधान्य थारला. संघर्षाच्या सुरुवातीपासून ३,७५,००० परस चड भारतीय सुखरूप भारतात परतल्यात. आतामेरेन इराणातल्यान सुमार एक हजार भारतीय सुखरूप परतआयल्यात.

देशातत्या शेतकऱ्यांनी देशा .चो अन्नसाठो फाव तितलो आसा हाची खात्री केल्या अशे ताणी सांगले. हंगामात योग्य पेरणी जावची हाचे खातीरय प्रयत्न करतात अशे तांणी म्हणाले.

Bhagat singh

महान स्वातंत्र्यसैनिक भगत सिंग, राजगुरु आणि सुखदेव हाच्या हौतात्म्य दिसा निमित्त दे शान काल .तांका आर्गा ओंपली. १९३१ वर्सा ह्याच दिसा ब्रिटीश साम्राज्या आड केल्या क्रांतिकारी कारवायां खातीर ब्रिटिश शासकांनी तांका लाहोरात फाशी दिल्ली. या भूमीपुत्रांनी राष्ट्रा खातीर दिल्या सर्वोच्च बलिदानाच्या यादीक, शहीद भगतसिंग हांच्या मूळ गावां खटकर कलान हांगा राज्यस्तरीय कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि हेर फुडाऱ्यांनी या महान स्वातंत्र्यसैनिकांक आदरांजली ओपली. लोकसभा आणि राज्यसभेनेय भगतसिंग, राजगुरु आणि सुखदेव हांका आदरांजली ओपली. राज्यसभेचे अध्यक्ष सी. पी. राधाकृष्णन हाणी म्हणाले की त्यांचे हौतात्म्य हे देशाच्या स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासातली फक्त एक घडणुक नासली, तर तो एक असो निर्णायक खीण आसलो

जाणे राष्ट्राची सद्सद्विवेकबुद्धी जागृत केली आणि वसाहतवादी राजवटी आड एकजुटीन उभे रावपाक लाखांनी लोकांक प्रेरणा दिली. Byte

Infra

NHI प्रायोजित राजमार्ग इन्फ्रा इन्व्हेस्टमेंट ट्रस्ट IIIT आज बॉम्बे स्टॉक एक्सचेंजचेर (बीएसई) सूचीबद्ध जातली. रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्रालयान ' माहिती दिली की, हो सूचीकरण सुवाळो रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरीच्या उपस्थितीत, मंत्रालय आणि एनएचएआयच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यांसयत जातलो .

आता मुखावेलयो खबरो

Elections 90

आसाम, केरळम आनी पुडुचेरी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया सोंपल्या. आयज उमेदवारी अर्जाची छाननी सुरू जातली. बेरेस्तार मेरेन उमेदवारी फाटीं घेवपाक मेळटा . फुडल्या म्हयन्याच्या णव तारखेक दोनूय राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांत एकेच टप्प्यांत मतदान जातलें.

तमिळनाडूंतल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर आनी अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या टप्प्याच्या वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक जारी जातली. तमिळनाडूंत 23 एप्रीलाक एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें. अस्तंत बंगालांत 23 आनी 29 एप्रीलाक दोन टप्प्यांनी मतदान जातलें. अस्तंत बंगालांतल्या दुसऱ्या टप्प्याच्या मतदानाची अधिसुचोवणी 2 एप्रीलाक जारी जातली.

चारय राज्यां खातीर आनी केंद्रशासीत प्रदेशा खातीर मतांची मेजणी मे म्हयन्यांत 4 तारखेक जातली.

Sitharaman 50

राष्ट्रीय आपत्ती निवारण निधीअंतर्गत केरळा खातीर एकूण सुमार ३१२ कोटी रुपया मंजूर केल्यात, पुण राज्य सरकारान या निधीचो वापर करुक ना अशे केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगले. आज लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरा वेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना ती उलयताली[ केरळ निधी सीतारामन

MSME च्या प्रवाहात बदल हाडप आनी गुंतवणुकी विशी उलयताना ताणी सांगले सीतारमण Invest byte

Sports 70

देशातल्या ट्रॅक अँड फील्ड खेळां खातीर एका नव्या पर्वाची सुरुवात करत, उवसावणपर राष्ट्रीय इनडोअर ॲथलेटिक्स चॅम्पियनशिप आज भुवनेश्वरातल्या कलिंगा स्टेडियमात सुरू जाता. या दोन दिसांच्या सर्तीत सत्याण्णव बायला सयत दोनशे अठ्यात्तर जणांनी सहभाग नोंदयला जातुन वरिष्ठ आणि २० वर्षांसकयल अशा दोनुय गटांमदी स्पर्धा जातली

Sports 25

फुटबॉलात इंडियन फुटबॉल लीग २०२५-२६ अंतर्गत फाल्या आयझॉल हांगाच्या राजीव गांधी स्टेडियमार आयझॉल एफसी आणि चानमारी एफसी मदी आयझॉल डर्बी खेळ जातलो. भारतीय वेळे प्रमाण साडेसक खेळ सुरू जातलो

Imd

कोंकण आनी गोंयात उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास दिला.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- पश्चिम आशियातल्या संघर्षाच्या फांटभुंयेर भारतान संबंध निर्माण करपाची, निर्णय घेवपाची आणि संकट व्यवस्थापनाची आपली क्षमता सिद्ध केल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला
- परराष्ट्र मंत्री, डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल अमेरिकेचे परराष्ट्र सचिव, मार्को रुबियो कडे दूरध्वनी वेल्यान संवाद साधलो.
- आसाम, केरळम आनी पुडुचेरी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया सोंपल्या. आयज उमेदवारी अर्जाची छाननी सुरू जातली.
- देशातल्या ट्रॅक अँड फील्ड खेळां खातीर एका नव्या पर्वाची सुरुवात करत, राष्ट्रीय इनडोअर ॲथलेटिक्स चॅम्पियनशिप आज भुवनेश्वरातल्या कलिंगा स्टेडियमात सुरू जाता

आनी इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबर सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटले सांजेच्या स वरा तीस mintancher

नमस्कार